**2nd April 2026                    7.25am**

**नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या**

**जनगणना 2027**

गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल, जनगणना 2027 खातीर स्वताची नोंदणी पुराय करून, एक आदर्श दवरला. दरेक जनगणना म्हत्वाची आनी दरेक आवाज, गोंयचो आनी राष्ट्राचो फुडार घडयता. अचूक आनी व्यापक डेटाबेस तयार करपाच्या देशभरांतल्या मोहिमेत, राज्य सामील जाल्ल्यान, मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी स्वताची जनगणना सादर केली. जनगणना ही फकत सांख्यिक न्हय, तर प्रभावी नियोजन आनी समावेशक शासनाची बुन्याद आसा, अशें तांणी सांगलें. मुळावी बांदावळ, भलायकी, शिक्षण ह्या सारक्या वाठारांनी अचूक म्हायती, निर्णय घेवपाक मदत करता, अशें तांणी नदरेक हाडून दिलें. ऑनलायन प्रक्रिया पुराय करूंक नाशिल्ल्यांक, 16 एप्रील ते 15 मे ह्या काळांत, आपल्या घरा भेट दिवपी गणकांकडल्यान मजत घेवंक मेळटली.

**राष्ट्रीय म्हामार्ग**

राष्ट्रीय म्हामार्ग 66 रुंद करपाक कळाव जाल्ल्यान राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी हुस्को उक्तायला. संसदेंतल्या शून्य प्रहरा वेळार, तनावाडे हांणी सांगलें की, मुंबय-गोंय म्हामार्ग हो कोंकण प्रदेश आनी गोंया खातीर एक म्हत्वाची जिवीत रेखा आसा जो पर्यटन, वेपार आनी येरादारी हांकां आदार दिता. पूण जमनी संपादनाचे प्रस्न, पर्यावरणीय मंजुरी, डिझायनांत बदल आनी कंत्राटदार संबंदीत प्रस्नांक लागून, प्रकल्पाक सेगीत कळाव जायत आसा. सरकारान कामाक गती दिवची आनी तें पुराय करपा खातीर स्पश्ट मुजत थारावची, असो उलो तानावाडे हांणी मारला.

**इंदिरा गांधी**

इंदिरा गांधी राष्ट्रीय मुक्त विद्यापिठाचो 39वो दीक्षांत सुवाळो 7 एप्रीलाक देशभर जातलो. मुखेल सुवाळो नवी दिल्लींतल्या मुखेल कार्यालयांत जातलो. ह्या सुवाळ्याक उप राष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. 51 प्रादेशिक केंद्रांनी एकाच वेळार हो सुवाळो जातलो. पणजी प्रादेशिक केंद्रांचो सुवाळो लोकभवनांतल्या

ज़ुआरी हॉलांत, दनपारां 3 वरांचेर जातलो. ह्यावेळार गोंयचे राज्यपाल पूसपती अशोक गजपती राजू मुखेल सोयरे आसतले. पणजी केंद्रांतल्यान वट्ट 1 हजार 517 विध्यार्थी, पदवी मेळोवपाक पात्र आसात. ह्या सुवाळ्या वेळार सुमार 150 विद्यार्थ्यांक, पदवी मेळटली.

## मंत्री तवडकार

आदीवासी कल्याण खात्याच्या मातृत्व येवजणेक, स्कॉच हे संस्थेचो रुप्या पुरस्कार जाहीर जाला. ह्या येवजणेचो गोंयच्या आधीवासी समाजातल्या 350 वयर जोडप्यांक फायदो जाला, 60 बायलांनी 72 भुरगीं जल्माक हाडल्यात. आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेद ही म्हायती दील्या.

गोंय सरकारान ही येवजण 2012 वर्सा चालीक लायील्ली. जाल्यार, ह्या येवजणेवरवी भुरगे नाशिल्ल्या जोडप्याक भुरगे जावपाखातीर IUI आनी IVF तशेंच हेर उपचाराखातीर 5 लाख रूपया मेरेन, अर्थिक मजत सरकार दीता, अशी म्हायती मंत्री तवडकार हांणी दील्या.

## पालिका प्रशासक

राज्यातल्या 6 नगरपालिकांचो कार्यकाळ सोपील्ल्यान सरकारान 6 पालीकांचेर प्रशासकाची नेमणूक केल्या. प्रशासक नियुक्तीचो आदेश जारी जाला. पेडणे, दिवचल, वाळपय, काणकोण, कुंकळळी आनी कुडचडे - काकोडा ह्या 6 नगरपालीकांचो कारभार आता प्रशासक पळयतले. फोंडा आनी साखळे सोडून राज्यातल्या 11 नगरपालिकांच्यो वेंचणुको, मे महिन्यात जातल्यो. प्रभाग फेररचणूक तशेच हेर प्रक्रिया, राज्य वेंचणूक आयोगा कडल्यान सूरू आसा.

## पंचायत

केंद्र सरकारान गोंयच्या ग्रामीण प्रशासना खातीर व्हड प्रमाणांत अर्थीक मजत जाहीर केल्या. 2025-26 वित्तीय वर्सा खातीर 15व्या अर्थ आयोगाच्या अनुदानांतल्यान 18.27

कोटी रुपया दितले. पंचायत राज मंत्रालय आनी जल शक्ति मंत्रालयान मान्य केल्लो हो निधी, खासा करून राज्यभरांतल्या गरजेच्या मुळाव्या साधनसुविधांची वाड करपा खातीर आनी सशर्त अनुदान दिवपा खातीर आसा. ह्या निधीचो दोनूय जिल्लो पंचायतीं आनी गोंयच्या 187 पात्र ग्रामपंचायतींक फायदो जातलो, जाका लागून थळाव्या प्रशासकांक म्हत्वाच्यो नागरी गरजो भागोवपा खातीर साधनसुविधा मेळटल्यो.

## खेळ

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं, लखनौ हांगाच्या भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकना स्टेडियमांत जाल्ले, सर्तीच्या पांचव्या मॅचींत, दिल्ली कॅपिटल्सान लखनौ सुपर जायंटसाक ६ विकेटींनी हारयलो.

## वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 35.2 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 25.6 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार